**म्हापशां प्रजासत्ताक दीस सुवाळो मनयलो**

ता. 26 जानेवारी 2026

म्हापसा हांगा ओयाजीत 77 व्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात पर्यटन मंत्री श्री. रोहन खंवटे हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो.

सुवाळ्यात उलयतना श्री. रोहन खंवटे हांणी आमी देशाच्या संविधानाप्रती समर्पित जावन आमकां संविधानान दिल्ल्या अधिकारंचो जापसालदारकीन उपेग करपाचो आनी देशाक आत्मनिर्भर करपा खातीर स्वता निर्धार करपाचो उलो मारलो.

फुडें उलयतना श्री. खंवटे हांणी सांगलें, गोंय राज्यान स्वयंपूर्ण जावपा कडेन नेटान वाटचाल सुरू केल्ल्याचे सांगून गोंय सरकारान प्रगतीच्या मळार नेटान पावलां मारतना लोकांच्या फायद्या खातीर म्हजे घर सारख्यों अनेक कल्याणकारी येवजण्यो सुरू केल्ल्याचे सांगलें. म्हजे घर येवजण गरीब आनी सामान्य लोकांक आपल्या घराचो कायदेशीर हक्क मेळोवन दिवपाक फायदेशीर थारतली, अशें तांणी सांगलें.

पर्यटन हो गोंयच्या अर्थवेवस्थेक योगदान दिवपी म्हत्वाचो वेवसाय आसून ह्या क्षेत्रांत आवश्यक आनी दर्जेदार साधनसुविधां निर्माण करून राज्यांत भेट दिवपी पर्यटकांक बरी सेवा दिवपाचो तशेंच युवकांक ह्या क्षेत्रांत रोजगाराच्यो संदी उपलब्ध करून दिवपाक सरकार प्रयत्न करता, अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार कला, संगीत आनी हेर क्षेत्रांत योगदान दिल्ल्यांचो सत्कार केलो. तातूंत ज्येश्ठ पत्रकार श्री. गुरूदास सावळ, शेखर वायंगणकर, व्यंकटेश शंखवाळकर, सर्गेस्त गुरूदास सिंगबाळ, सतीश नाईक आनी प्रमोद खांडेपारकर हांचो आस्पाव आशिल्लो.

ह्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्याक उपजिल्हाधिकारी श्रीमती वर्षा परब, उपजिल्हाधिकारी-2 वसंत प्रसाद दाभोलकर, मामलेदार अनंत मळीक, हेर सरकारी अधिकारी आनी नागरिक हजर आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/69

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.